# आयुष मंत्र्याहस्तूकीं कांसारवर्णेच्या पुनर्वसन प्रकल्पाचे उक्तावण

ता. 28 नोव्हेंबर 2018
7 मार्गशीर्ष 1940

केंद्रीय आयुषमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक हांणी आयज पेडणे म्हालातल्या कासारवर्णे हांगा मोपा विमानतळ प्रकल्पग्रस्त 14 कुटुंबियांच्या पुनर्वसनाखातीर बांदिल्ल्या घरांचे पर्यटनमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांचे उपस्थितीत उक्तावण केले. श्री. श्रीपाद नाईक आनी श्री. मनोहर आजगांवकर हांच्या हस्तूकीं चवदा कुटुंबांक घराच्यो चाव्यो सुपूर्द केल्यो.

हया वेळार उलयताना श्री. श्रीपाद नाईक हांणी पेडणे म्हालात मोपा विमानतळ आनी हेर विकास विकल्पांखातीर आपली जमीन दिल्ले खातीर पेडणेच्या लोकांची तोखणाय करून मोपा विमानतळ प्रकल्पग्रस्त 14 धनगर कुटुंबियांच्या पुनर्वसनाखातीर 100 चौ.मी.जमनीत घरबांदकामासयत गोठयाखातीर 50 चौ.मी.जमीन, समाज सभाघर तशेंच 20,000 चौ. मी. जनावरांक चरपाखातीर जमीन उपलब्ध केल्ली आसा अशी म्हायती आयुष मंत्र्यानी दिली.

श्री.आजगांवकर हांणी सरकार समाजातल्या सर्वसामान्य लोकांच्या कल्याणाखातीर काम करता अशें सांगून तांणी पुनर्वसन प्रकल्पाखातीर मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांचे उपकार मानले. पेडणे म्हालातल्या नियोजित आयुष सेंटर, इंटरनॅशनल क्रिकेट स्टेडियम, मोपा विमानतळ आनी हेर प्रकल्पाक लागून पेडणे म्हालातल्या लोकांखातीर रोजगाराच्यो संधी उपलब्ध जातल्यो अशें तांणी सांगले. गोंयच्या सगळया वाठारांनी विकासाची कामां नेटान चालू आशिल्ल्याचेय पर्यटन मंत्र्यानी सांगले.

पेडणेच्या नगराध्यक्षा श्रीमती सुविधा तेली, जिल्हो पंचायत वांगडी श्री.रमेश सावळ, कासारवर्णेचे सरपंच श्री. श्यामसुंदर नाईक, आमरे-पोरस्कडेचे सरपंच श्री. रोश फर्नांडिस, चांदेलचे सरपंच श्री. संतोष मळीक, मोपाचे सरपंच श्रीमती पल्लवी राऊळ, वारखंडेचे सरपंच श्री. प्रदीप कांबळी आनी जीएमआर कंपनीचे अधिकारी हयावेळार हजर आशिल्ले.

सुरवेक नागरी उड्डान संचालनालयाचे संचालक डॉ.एस.शानभोगे हांणी येवकाराचे उलवप केले. डॉ. रूपा च्यारी हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले तर श्री. ज्ञानेश्वर वरक हांणी निमणे उपकार मानले.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1771